**17 नोव्हेंबराक राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस कार्यक्रम**

ता. 13 नोव्हेंबर 2025

भारतीय पत्रकारिता मंडळाच्या स्थापनेच्या उगडासाक प्रत्येक वर्सा राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस मनयतात. राष्ट्रीय पत्रकारिता दिसानिमतान 17 नोव्हेंबर 2025 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय संपादक मंडळ, गोंय पत्रकांर संघ, गोंय फोटो पत्रकांर संघटना, इलेक्ट्रॉनिक माध्यम पत्रकांर संघटना, खेळां पत्रकांर संघटना आनी दक्षीण गोंय पत्रकांर संघटनेच्या जोड पालवान पणजे इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस कार्यावळीचे आयोजन केला.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हे कार्यक्रमाक मुखेल सोयरे म्हूण उपस्थित रावतले. म्हायती आनी प्रसिध्दी सचीव श्री. सरप्रित सिंग गील कार्यक्रमाक मानाचे सोयरे आसतले.

ह्या वेळार पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर ज्येश्ठ पत्रकार आनी नामनेचे व्यंगचित्रकार श्री. आलेक्सी फर्नांडिस हांका जीणेगौरव पुरस्कार भेटयतले.

तशेंच ज्येश्ठ पत्रकार ज्योईल आफोंस (द गोवन एव्हरीडे), जय नाईक (तरूण भारत), अतुल पंडित (भांगरभूंय), बबन भगत (नवप्रभा), नंदेश कांबळी (नवहिंद टायम्स) हांचो पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर सत्कार करपात येतलो. तशेंच फोटो सर्तीच्या जैती वंतांक इनामां भेटोवपात येतली.

उपरांत "पत्रकारितेत बायला, आव्हानां आनी संदी" ह्या विशयाचेर चर्चासत्र जातलें. तातूंत देवीका सिक्वेरा, श्रीमती गौरी मळकर्णेकर (टाईम्स इंडिया), श्रीमती संगीता नाईक (डिजिटल गोवा), श्रीमती डायना फर्नांडिस (नवहिंद टायम्स), श्रीमती प्रज्ञा गावकर राणे (दूरदर्शन) वाटो घेतली.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/874

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.